# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजू व्हड गुरू



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





जेजू एक व्हड शिक्षक आशिल्लो – सगळ्यांत बरो. लोक ताचें आयकतालें. जेजून तांकां दयाळ, बरे आनी दयाळू जावंक सांगलें. हेर लोक तांचो दुस्वास करतात आनी तांकां दुखोवंक शकतात, पूण देव तांची काळजी घेतलो.


जेजून जायतीं गजाली शिकयलीं. मेणवाती घरांत जसो उजवाड घालता तसोच देवाचे लोक संवसार उजवाडायतात अशें ताणे सांगलें. काळखांतल्या कुडींत मेणवाती कितलो फरक घालता!
3
जेजून उलयिल्ले लोक बदलो घेवपाचेर विस्वास दवरताले, “दोळयाक दोळो, दांताक दांत.” पूण जेजून दुस्माना कडेन लेगीत दयाळपण, माफी आनी मोग शिकयलें.
4
जेजूच्या काळांत कांय लोक खूब पवित्र आशिल्ल्याचें नाटक करताले. भिकारींक पयशे दितना सगळयांक पळोवपा खातीर एका मनशाक तुरही वाजोवंक लायताले. “तुमचें दान गुपीत करात, आनी देव तुमकां इनाम दितलो” अशें जेजून सांगलें.
5
जेजून मागणें विशीं तशेंच शिकयलें. कांय जाण व्यस्त रस्त्याच्या कोनशांनी मागणें करताले, जाका लागून सगळयांक पळोवंक मेळटालें आनी आयकूंक मेळटालें. तांकां देवाची कांयच पर्वा नाशिल्ली. हेरांक तांचे विशीं कितें दिसता हाची तांकां काळजी आशिल्ली. जेजून तांकां पाखंडी म्हणलें – खोटे नट.
6
जेजून आपली शिकवण स्पश्ट करुंक जायते फावटीं सैमाचो उपेग केलो. देखीक- ताणें सुकण्यां कडेन नदर मारली. “तुजो सर्गींचो बापूय तांकां पोसता” अशें ताणें सांगलें. “काळजी करुंक नाका. देवूय तुका पोसतलो.”
7
“गिरेस्त राजा सोलोमन लेगीत फुलां इतलो बरे कपडे घालनाशिल्लो” जेजून फुडें सांगलें. “देव शेतांतल्या तणाक कपडे घालता जाल्यार तुमकांय कपडे घालचो ना?” जेजू लोकांक आमच्या सगळया गरजांची पुरवण करपी देवाचेर विस्वास दवरपाक शिकयतालो.
8


“तुज्या भावाक न्याय
केल्यार, तुज्या दोळयांत
व्हडलो लाकडाचो
कोंबो आसताना
ताच्या दोळयांतल्यान
काराखडो काडपाचो
यतन करपा सारकें”
जेजून सांगलें. घडये
लोक हांसले. पूण तांकां
ताचो अर्थ विचार
करचो पडलो.
9


जेजून म्हणलें
लोकांनी देवा कडेन
आदार मागचो.
उपाशी भुरगीं
भाकरी मागतात
तेन्ना पृथ्वीवयले
बापूय फातराची गांठ
दितात काय? ना! ते
बऱ्यो वस्तू दितात.
मागपी लोकांकय देव
बऱ्यो गजाली दिता.
10


जेजू, व्हड गुरून खोट्या गुरूंविशीं
शिटकावणी दिली. “ते मेंढरां सारके
कपडे घालतात” जेजून सांगलें. “पूण
भितरल्यान ते वाग!” खोट्या शिक्षकांक
तांणी जियेल्ल्या जिवितांतल्यान
वळखतले अशें तांणी सांगलें.
11


ताणें सांगल्ल्या एका काणयेंत जेजून दाखयलें की देवाचें
उतर पाळपी लोक खडपाचेर आपलें घर बांदपी मनशा सारके
आसात. एक भयानक
वादळ उदेलें. तें सोंपतकच
घर घट्ट उबें रावलें.
12


पूण एका मूर्ख मनशान रेंवाचेर आपलें घर बांदलें.
वादळान ताचेर धुमशेण काडलें तेन्ना ताची बुन्याद
दुबळी आशिल्ल्यान ती कुशीक पडली. जेजून सांगिल्लें
की जे लोक देवाचें उतर पाळनात ते त्या मनशा सारके.
13


जेजूच्या उतरांनी लोक अजापीत
जाले. अशीं गजाली तांणी पयली
केन्नाच आयकूं नाशिल्लीं. आतां तांकां
कळळें की देवाचें उतर आयकून पुरो
जायना. तशेंच दर दिसा तें
पाळपाक जाय.
14

जेजू व्हड गुरू

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मातेव ५-७, लुकास ६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130



# शेवट

42

60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात!   जुांव 3:16